आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

8.40 am 15 JULY 2025

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज रेवेनशॉ विद्यापिठाच्या तेराव्या वर्सुकी दीक्षांत सूवाल्याक हाजीर रावपाची आसात आनी ओडिशाच्या कटकांतल्या रेवेनशॉ गर्ल्स हायस्कूलच्या तीन इमारतींच्या पुनर्विकासाची बुन्याद घालतली . पंदराव्या शेंकड्यांत जल्मल्या व्हड ओडिया कवी आनी विद्वान आदिकाबी सरला दास हांच्या जयंती सुवाळ्यात ती वांटो घेतली आनी कटकांत कलिंग रत्न पुरस्कार 2024 भेटयतली.

---

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी गुंतागुंतीच्या आंतरराष्ट्रीय परिस्थितीत भारत आणि चीनमधले विचार आणि दृष्टिकोनांचे उक्ते आदानप्रदान करपाचे महत्त्व अधोरेखित केले. डॉ. जयशंकर हांणी बीजिंगात चीनचे उपराष्ट्रपती हान झेंग हांची भेट घेतली. या भेटीत त्यांच्या चर्चेतल्यान सकारात्मक मार्ग कायम उरतलो असो विश्वासय मंत्र्यांनी व्यक्त केलो. **Byte**

---

टोरोंटोंत रथयात्रे वेळार जाल्ल्या व्यत्ययाचो भारतान खर निशेध करून ही कृती घृणास्पद आसा अशें म्हणलां आनी कॅनेडियन अधिकाऱ्यांक जापसालदार आशिल्ल्यां आड कारवाय करची अशें आवाहन केलां. हे घडणुके विशीं प्रसार माध्यमांनी केल्ल्या प्रस्नांक जाप दितना विदेश व्यवहार मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी सांगलें, की ह्या कृत्या खातीर जापसालदार धरपाक भारतान कॅनडियन अधिकाऱ्यां कडेन हो प्रस्न खरपणान उपस्थित केला

---

राष्ट्रपती मुर्मू हाणी ओडिशात बालासोरात एम्स-भुवनेश्वर फकीर मोहन ऑटोनॉमस कॉलेजीच्या हांगा जळील्या विद्यार्थिनी पीडितेच्या पालकांची भेट घेतली. विद्यार्थिनीचेर लैंगिक छळाचो आरोप करून आत्मदहनाचो प्रयत्न केल्या उपरांत ती एम्स-भुवनेश्वर हांगा उपचार घेता . संस्थेच्या दीक्षांत समारंभाक उपस्थित रावल्या उपरांत राष्ट्रपती एम्स-भुवनेश्वरच्या बर्न सेंटरात गेली आणि विद्यार्थिनीचेर उपचार करपी डॉक्टरांकडेन तिच्या प्रकृतीची आणि तिच्यार जाल्या उपचारांची विचारपूस केली. विद्यार्थिनी ९५ टक्के भाजल्या आणि तिका अत्यंत गंभीर स्थितीत जीवनरक्षक प्रणालीन सुसज्ज दवरला. मजगती पोलिसांन या घडणुकी प्रकरणात फकीर मोहन कॉलेजच्या निलंबित प्राचार्याक अटक केली. हाचे आदी विद्यार्थिनीचेर लैंगिक छळ केल्याच्या आरोपाखाला मुख्य आरोपी, कॉलेजीचो सहाय्यक प्राध्यापकाक अटक केल्ली

---

बिहारांतल्या खाशेल्या सघन सुदारणा मोहिमेक लागून वेंचणूक वळेरेंतल्यान 88 टक्क्यां वयर मतदारांचें सत्यापन पुराय जाले. 17 लाखां परस चड मतदार कायमचे बिहारा भायर रावतात. अदमासा प्रमाण 0.73 टक्के मतदार म्हळ्यार सुमार 5.5 लाख मतदारांचीं नांवां दोन सुवातींनी नोंद जाल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. ही प्रक्रिया पुराय जातकच सद्याचे मतदार वळेरेंतल्यान 35 लाखां परस चड मतदारांचीं नांवां सत्यापना उपरांत काडून उडयतले असो अदमास आसा.

---

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हांचो कार्यकाळ सोपपाक आयिल्ल्यान नव्या राज्यपालांची नेमणूक जाल्या. आदले केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांका गोयचे राज्यपाल म्हण नियुक्ती केल्या मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर मंत्री तशेच राजकी पक्षांनी तांचे नेमणुकेक येवकार दिला.

राजू हे २५ वर्सां परस चड काळ आंध्र प्रदेश राज्य विधिमंडळाचे वांगडी आशिल्ले आनी १३ वर्सां आंध्र प्रदेश सरकारात मंत्री आशिल्ले.

---

केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हाणी कर्नाटकात भारतातल्या दुसऱ्या सगळ्यात लांब केबल-स्टेड सिगंदूर पुलाचे उक्तावण केले. केंद्रीय रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हाणी कर्नाटकात शिवमोगा जिल्ह्यात सागर तालुक्यात शरावती बॅकवॉटर्स चेर भारतातल्या दुसऱ्या सगळ्यात लांब केबल-स्टेड सिगंदूर पुलाचे उक्तावण केले. सागरा आणि मरकुटिका मजगतीचो हो पूल २.४४ किमी लांब आणि १६ मीटर रुंद आसा. हो पूल सागरा

शारापासून प्रसिद्ध चौडेश्वरी मंदिर आशिल्या सिगंदूर मेरेनचे अंतर कमी करतलो. यावेळार उलयताताना मंत्र्यांनी पुलाचे नाव देवी चौडेश्वरी देवी अशे दवरले

---

केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री, सर्वानंद सोनोवाल हाणी सांगले की, विशाखापट्टणम बंदर देशाच्या आर्थिक प्रगतीत महत्त्वाची भूमिका निभायता. आंध्र प्रदेशच्या भेटी वेळार बिमस्टेक कॉन्क्लेव्हच्या दुसऱ्या आवृत्तीच्या शुभारंभाचो भाग म्हणून, त्यांनी विशाखापट्टणम बंदराक भेट दिली आणि ड्रेजिंग कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया आणि मर्कंटाइल मरीन डिपार्टमेंटकडे संबंधित 320 कोटी रुपयांच्या मुळाव्या सुविधा प्रकल्पांची बुन्याद घाली. या वेळार उलयताना ताणी म्हणले की विशाखापट्टणम बंदर फाटल्या 92 वर्सां सावन कार्यरत आसा आणि सध्या कंटेनर पोर्ट परफॉर्मन्स इंडेक्सात जागतिक स्तरार 19 व्या क्रमांकाचेर आसा.

---

केंद्रीय मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हाच्या अध्यक्षतेखाला ELI योजनेच्या अंमलबजावणी विशी बसका जाली.केंद्रीय कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया हांणी नवी दिल्लीत राज्यांच्या कामगार मंत्री आणि राज्य उद्योग मंत्र्यांवांगडा एक आभासी उच्चस्तरीय ब सका घेतली. या बसकेचो उद्देश अंमलबजावणी पद्धतींचेर चर्चा करप आणि रोजगार संलग्न प्रोत्साहन (ELI) योजनेच्या प्रभावी अंमलबजावणीखातीर सहयोगी धोरणांचो शोध घेवप आसा .

---

ELI योजना ही आत्मनिर्भर भारत निर्माण कर पाच्या दिशेन PLI योजने उपरांत दुसरे पावल आसा. मंत्र्यांनी राज्य मंत्र्यांक मीडिया ब्रीफिंग, टेलिव्हिजन आणि रेडिओ मुलाखती आणि हेर व्यासपीठां वरवी या योजनेचो सक्रियपणान प्रचार करपाचे आवाहन केले.

---

केंद्रीय बंदर, जहाजबांधणी आणि जलमार्ग मंत्री, सर्वानंद सोनोवाल यांनी विशाखापट्टणमात दोन दिसांच्या बिमस्टेक बंदर परिषदेचे उक्तावण केले. हे वेळार उलयताना सोनोवाल हाणी म्हणले की, भारताचे नेबरहूड फर्स्ट धोरण प्रादेशिक सागरी क्षेत्रात सहकार्याचे फुडारपण करपाच्या त्याच्या वचनबद्धतेचे उदाहरण आसा. गेल्या दशकात देशांतर्गत बंदरां वरवी मालवाहतूक सेवांत ७० टक्क्यांनी वाढ जाल्या अशेय, ताणी नमूद **केले BYTE- सर्वानंद सोनोवाल**

---

---

वाणिज्य आणि उद्योग मंत्री पियुष गोयल हाणी म्हणला की, सरकार वन डिस्ट्रिक्ट वन प्रोडक्ट (ODOP) अंतर्गत पयलेच खेप निर्यातदारांक आणि नवीन बाजारपेठांक प्रोत्साहन दिवपाक नवीन मार्गदर्शक तत्वा जारी केल्यात. आज नवी दिल्लीत राष्ट्रीय एक जिल्लो एक उत्पादन २०२४ पुरस्कार समारंभात ते उलयताले .

---

भारतीय हवामान खात्यान आयज राजस्थान आनी छत्तीसगडाच्या कांय वाठारांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडले दोन दीस राजस्थान आनी छत्तीसगडात एकसुरे सुवातिनी पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा.

---